## **सरकार तुमच्या दारांत- लोकांक त्रासमुक्त सेवा दिवपाखातीर उपक्रम - मुख्यमंत्री**

ता. 8 ऑक्टोबर 2021

मुळाव्यों सुविधां आनी सरकारी येवजणों लोकांच्या दारामेरेन पावोवन राज्याच्या सर्वांगीण विकासाचे उद्दीश्ट पुर्ण करप हो 'सरकार तुमच्या दारांत, ह्या उपक्रमाचो उद्देश आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज एमईएस कॉलेज, जुवारीनगर हांगा मुरगांव तालुक्याखातीर आयोजीत 'सरकार तुमच्या दारांत' कार्यक्रमात उलयताना सांगलें.

मुख्यमंत्री डॉ.सावंत हांणी फुडें म्हणले, राज्य सरकार नागरिकांक मूलभूत सुविधा पुरोवपाक वचनबद्द आसून सरकार तुमच्या दारांत कार्यक्रमा वरवीं प्रशासकीय यंत्रणां लोकांच्या दारामेरन व्हरून लोकांच्यो वेगवेगळ्यों समस्यां आनी अडचणी समजून घेवन त्यो सोडोवपात येतात. आतामेररेन वेगवेगळ्यां म्हालांनी आयोजीत केल्ल्या उपक्रमांक लोकांचो बरो प्रतिसाद मेळ्ळा. सरकारी कार्यालयांनी फावटीं घालीनासतना लोकांची कामां पूर्ण जातात आशिल्ल्यान मुख्यमंत्र्यान समाधान उक्तायले. तशेंच ह्या उपक्रमातल्यान लोकांक वेगवेगळ्या कल्याणकारी येवजणांचो लाव घेवपाखातीर मार्गदर्शन आनी सहकार्य करपात येता, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

पंचायत मंत्री श्री. माविन गुदिन्हो, नगरविकास मंत्री श्री. मिलिंद नाईक हांचेय ह्या वेळार उलवप जालें.

कार्यक्रमाक कुठ्ठाळीच्यो आमदार श्रीमती अलिना साल्डाणा, वास्कोचे आमदार श्री. कार्लुस आल्मेदा, अनिवासी भारतीय आयुक्त श्री. ॲड. नरेंद्र सावईकर, दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी श्रीमती रुचिका कात्याल आनी हेर सरकारी अधिकारी उपस्थितीत आशिल्ले.

उपक्रमाच्या उक्तावण कार्यक्रमा उपरांत आझादी का अमृत महोत्सव कार्यक्रमाअंतर्गत ज्येश्ठ नागरिकांचो सत्कार करपात आयलो. तशेंच कोवीड पिडित कुटुंबांक अर्थिक मजतीचे धनादेश वितरित केले.

मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी मुरगांव तालुक्यातल्या स्वयंपूर्ण गोंय मोहिमेखाला नियुक्त केल्ल्या स्वयंपूर्ण मित्रांची बसका घेवन कामाचो नियाळ घेतलो.

कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन मुरगांवच्यो उपनगराध्यक्ष श्रीमती श्रध्दा महाले हांणी केले आनी श्री, संदीप सूद हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/838

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji